
चैत्रकविता

- आर. एस. भास्कर

चैत्रकविता

(कविता संग्रह)

आर.एस.भास्कर



चैत्रकविता

(कवितासंग्रह)

आर. एस. भास्कर
राम मंदिर,
10/539 जनार्दन मंदिर (साउथ)
अमरावथी, कोची
केरळ–682001
मोबाईल : 8891306123
bhaskarkochi@gmail.com

प्रकाशक :
संजना पब्लिकेशन्स
39, दत्तवाडी, सांगे,
गोवा – 403704
sanjanapublications2@gmail.com

पयली उजवाडणी : **2020**

छापणावळ :
रीया ग्राफिक्स
मोबाईल : 9049749211

मोल : ₹ 150/–

CHAITRAKAVITA

(Collection of poems)

R. S. Bhaskar
Ram Mandir
10/539 Janardhan Temple (south)
Amaravathi, Kochi
Kerala - 682001
Mob. : 8891306123
bhaskarkochi@gmail.com

Publisher :
Sanjana Publications
39, Dattawadi, Sanguem,
Goa. 403704
sanjanapublications2@gmail.com

First Edition : **2020**

Printing :
Riya Graphics
Mob. : 9049749211


Price : ₹ 150/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादमीच्या साहित्य प्रभा आर्थीक पालव येवजणे खाला छापलां

सहधर्मिणी

राधामणी

हांका



चैत्रकविता : एक अणभव

आर. एस. भास्कर हे आमचे पिळगेचे एक म्हत्त्वाचे कवी. कोंकणीच्या मूळ पिठापासून पयस कोच्ची सारकिल्या शारांत रावन ते व्हडा निष्ठेन कवितेची साधना करतात. तांचे सहप्रवासी म्हळ्यार पी. शिवानंद शणै, शरच्चंद्र शणै. हे सगळे कवी आपलें खाशेलें अशें व्यक्तिमत्त्व जपून आसात. एक ल्हान समाज एका व्हडल्या समाजा भितर वावुरता तेन्ना तो त्या व्हडल्या समाजामर्दी विर्गळून वचपाची शक्यताय आसता. कोंकणी समाज मळ्ळ्याळम सारकिल्या एक व्हड समाजामर्दी वावरूनूय आपलें अस्तित्व आनी वेगळी अस्मिताय जपून आसा ही लक्षांत घेवपा सारकी गजाल म्हणपाक जाय. कोंकणी लेखकांचो मल्ल्याळी साहित्याकडेन लागींचो संबंद आयिल्ल्यान तांकां ताचो लाव जालो अशें म्हणपाक जाय.

आर. एस. भास्कर फाटलीं कांय दसकां कविता बरयतात. ''ऋतू'' सारकिल्या कवितेक ओंपिल्ल्या नेमाळ्यांत ताच्यो कविता वाचपाक मेळ्ळ्यो आनी ताचे कवितेचें वेगळेंपण लक्षांत आयलें. हें वेंगळेंपण भाशेचें आनी तिच्या अभिव्यक्तीचेंय.

भास्कराक सामाजिक, राजकीय आशया बरोबरच सैमाची सुमारा भायली ओड आसा. 'चैत्रकविता' ह्या ताच्या नव्या कविता संग्रहांतल्यो कविता हाची गवाय दिता.

चैत्र कविता म्हजी

चैत्र म्हयन्याचो हारसो आसा म्हणटाय
हातूं चैत्राचे बरोबर
वैशाखाचो आगमनूय दिसता
वसंत रुतू
फुलां फळांनी परमळेता

चैत्र म्हयन्याचें म्हूण आगळें वेगळें सौंदर्य आसता. चैत्र नखेत्र झगझगता आनी पुनवेचें चांदने शिंवरूंक लागता. वसंत रुतूची ती एक सुरवात आसता आनी सगळो सैम एक नवें रुप घेता. म्हाका हांगा बाकीबाब बोरकाराले 'बारामास' हे कवितेची हांगा याद जाता. ते कवितेंत बाकीबाब वर्सांच्या बारा म्हयन्याच्या सौंदर्यांची आपले बायलेच्या रुपाकडेन तुळा करता. प्रत्येक म्हयन्याचें आनी तेच भशेन रुतूचें आपलें अशें खाशेलेंपण आसलें तरी सर्वसामान्य मनश्याच्या मनांत चैत्र आनी वसंत रुतूचें रुप आपली छाप दवरता. चैत्रा भशेनूय आशाड म्हयनो कवीक भावता. हो म्हयनो कवीचें संवसाराकडलें नातें परगटायता आनी आशाडाचो पयलो पावस भुंयेक सृजनाची खोस दिता. संगिताचे भाशेंत तर प्रत्येक रुतूचेर रागांची रचना केल्ली मेळटा. तातूंत वर्षारुतूचेर वेगवेगळ्या मल्हारांच्यो बंदिशी बांदल्यात. मल्हारांतल्यान धतरिच्या श्रृंगाराची अनुभूति येता. पूण आज पावस पयले भशेन पडटा व्हय? कांय फावट तो पडच ना. आनी एक फावट कोसळूंक लागल्यार सांवार करता. अश्या कवितांनी भास्कर पर्यावरणा सबंदानची आमची जाणविकाय जागी दवरता. एक गजाल लक्षांत दवरपाक जाय ती अशी की हो हेत मनांत दवरून ताणी ह्यो कविता करूंक ना. ही जाणविकाय तांच्या अणभवविश्वाचो एक वांटो आसा. ताका लागून त्यो प्रचारकी थाटाच्यो जावंकना ही गजाल ह्यो कविता वाचतना लक्षांत येता. आयच्या काळांत राजकीय आनी सामाजीक आशयाच्यो चडावत कवीता हेत दवरून बरयल्लेभशेन दिसतात. तातूंत अणभवाचो वांटो खूप कमी दिसता.

कांय इतिहासीक आनी तेच भशेन व्यव्हाराक लागून एक पुराय समाज स्थळांतर करता. कोंकणी समाजाचे बाबतींत हें स्थळांतर मुखेलपणान मंगळूर

आनी केरळ ह्या वाठारांत जालें. अशें जरी आसलें तरी हो समाज आपलें लोकसंस्कृतायेचें दायज विसरूंक ना. तातूंतलें एक भुरग्यांखातीर आशिल्लें एक गीत आजूय गोयांत आनी केरळ कर्नाटकात घोळटुकेंत आसा. गोंयांतलें गीत म्हळ्यार 'कावळ्या काक्या रे/बाळाच्या मामा देखिलो?/देखिलो सांतेकू/ रे ताच्या सत्री खांकेकु' हेंच गीत केरळ वाठारांत थोडें वेगळें रुप घेवन घोळटा. गावांत वचून कावळ्या कडेन ते गोंयांत आशिल्ल्या तांच्या सोयऱ्या धायऱ्यांची खबर घेतात. कावळ्याची भूमिका दुताची आसता आमच्या समाज जीणेंत कावळ्याची प्रतिमा अशी रुजल्या. स्थळाकाळा प्रमाण आज परिस्थिती बदलत आसा.

कोणाक जाय आज
आयकुपाक हांगा
मायभूंय सेणिल्ल्या
पूर्वजांची कथा?

अशें थोडेश्या कळवळ्यान कवी उद्गार काडटा. म्हजे नदरेन भास्कराची ही एक महत्त्वाची कविता.

रमेश भगवंत वेळुस्कार गेल्या उप्रांत भास्कराक जें जाणवलें तें ताणे, दोन कवितांतल्यान व्यक्त केलां.

'मोरपाखां दिसतना' ही कविता ताची गवाय. वेळुस्कार हो मुळांत सैमाचो कवी. 'मोरपाखां' ह्या संग्रहांतल्यो कविता सैम आनी शृंगार रसान भरिल्ल्यो. आजूय ह्या संग्रहांतल्यो कविता आपलें सौंदर्य राखून आसात. मुखार तिचें रुप बदल्लें. थोडेशें तिच्या मूळ रुपाकडेन विसंगत कशें. हीं मोरपाखां कवीच्या सपनांत, यादींत येतात आनी आज हो कवी आमचे मदीं ना हो विचार ताका आकूळ पिकूळ करता. पूण हो कवी कूडीन जरी आमचे मदीं नासलो तरी तो आपले कवितेच्या रुपान आमचे मदां सदांकाळ उरतलो.

ह्या कवीक राजकीय विशय वर्ज्य ना. पूण त्यो कविता थोड्यो भोव कृत्रिम आनी अडेच्यो दिसतात. कांय कडेन हो कवी कमीत कमी उतरां वापरता तेन्ना ताची आशयाकडेन भिडपाची तांक लक्षांत येता. ''मौन'' ही

कविता ताची एक बेसबरी देख. कवी म्हण्टा :

मौनांत
हयकार आसा
मौनांत
न्हयकार आसा
मौन
गगनाच्या शिमीतींत
व्यापून आसा
मौन
गगनाच्या शिमीतीत
व्यापून आसा

खूप फावट कविता शब्दांच्याय पेल्यान वता ती अशी.

रोशेल पोतकर ही भारतीय इंग्लीश कवयित्री आनी समिक्षक भास्कराचे कविते संबंदान बरयता : The smell of the earth, its cyclical entwining of elements rubbing of each other, germinates the rich, pocket - Sized poems from R. S. Bhaskar's Pen. पोतकर हिच्या उतरांचो अणभव ह्यो कविता वाचतना येता.

– माधव बोरकार

मांडावळ

1.

शेवण्यांचे किलकिलाट

आर्दी-
सकाळ परार
शेवण्यांचे किलकिलाट
कानार पडताले
आनी सदां
उठावप जाताले

आतां-
शेवण्यांचो आवाज
आयकूंकच ना
देखून,
सकाळचे उठावप
वेळार पडना
खंय चुकला कोण जाणा?
शेवण्यांक आवाज बंद जाला
कांय,
आपले कानेन्द्रीय बंद?

2.
निटळार भांगरा तिकली आशिल्लें शेवणें

दर दिसा दनपराचें
चुकनाशें आमगेर पावता
काळेंकिट्ट अंगाचे शेवणें-
निटळार भांगरा तिकली आशिल्लें

सारकें वेळार उडून येता
आनी जगलेच्या वणटीचेर बसता
खाण घेतिल्ले उपरांत
आवाज दीत परतून उडून वता

शेवण्याची संवय आगळी वेगळी-
तांदळा कणी दिल्यार घेना
गंवाची कणीय नाका ताका
खाता पुण बाजरी धान्य मात्र!

शेवण्याकडेन जाल्या इश्ट
म्होण दर दिसा वाट पळेता
दीस सबार जाल्याय तरीय
नांव ताज्यें वळखून घेवंकच ना

बाजरी घेवंक वता तेन्ना
शेटी केन्ना विचारता अशें-
आयलें रे तुज्यें शेवणें
भांगरा तिकली लायल्लेलें?

शांतेरीकडेन वच तेन्ना
शांतेरिचो भट विचारता-
चुकनाशें येता मूं गा
भांगरा तिकलेचे शेवणें ?

वाड्यावेलें जाणटें आनी भुरगें
केन्ना केन्ना विचारताय उत्सुकेंन-
दुर्मीळ म्हज्या शेवण्या विशीं
आनी अपरूप ताज्या संवयचें विशीं

भांगरा तिकलेचे शेवण्या विशीं
शेवण्या कोशांत तरी उल्लेखूच दिसना
पुण काळेंकीट्ट शेवणें म्हजें
सगळ्यांक आज वळखीचें जाला!

3.

फेसबुक

फेसबूकावेल्यान आज
पळोवंक मेळ्ळो
गांवांतच्यान धुवडेन
घालो पोस्ट

अपुरबयेच्या ताज्या
कुकडान आज
पयलें पावटी
घाल्या तांती

पोस्टावेल्यान दिसता
कुकड रुपेस्त
कुकडाकडेन
आसा दिसता तांती

मागणी ताज्यी
आयकली म्होण
देवाकडेन तें
उपकारूय मागाता

आतां ताका
जाणविकाय आयल्या
तांतेच्या पोटांत
आसा जीव

मुखारच्यान तें
तांती मारन फुटोवचिना
तांतेची पोळी
केन्ना घालचिना

आपूण आनी
पोळी खावचिना
घोवाकय आनी
खावंक दिवचिना

देवान घालो
प्राण न्हू-
आपूण जावन
काडूं कित्याक?

देवाच्यानतरी अशें
सांगून मागीर
देवाच्या नांवार तें
सोपुदूय घेता

एकूय तांती
तें कोणाक दिवचिना
पुराय तशेंच
संबाळून घेतलें

कुकड उपरांत
झोराक बसतना
उबेक खातीर तें
दवरतलें तांत्यो

तांती फुटून
पिलां भायर सरतली
आंगणभर अशेंच
धावन भोंवतली

सानुल्याक ताज्या
सांगात खेळूंक
कुकडापिलां हीं
आसतलींच मूं!

धुवडी सांगताले हें
रोखडेंच समजून घेवन
परतून हांवें
मारलें लयक!

4.

म्हज्यें माजर आतां बुदवंत जालां

म्हज्यें माजर आसा न्हय?
आतां बुदवंत जालां
जल्म स्वभावांत सावन
आतां तें वदलां
म्हज्यें माजर
आतां बुदवंत जालां.

आर्दींचें वरी तें आतां
हुंदरा फाटल्यान धांव घेना
हुंनदीर येवन मुखार रावलो तरीय
तें आंगार हात घालना.

दोळे धांपून दूद पिवपाची
संवय ताणे सोडल्या
आतां तें दोळे उक्तेंच दवरन
दूद पीवन सरेयता.

धांपून दवरल्या कुळ्यांत सावन
आतां तें बांगडो चोरून घेना
बांगड्या कुटुको बसींत दवरन दितना
मात्र तें काडून खाता.

सुण्यांच्या कावळ्यांच्या झगड्यांत
आतां तें वांटेक पावंकच ना

चानयेच्यो आवाज लेगीत
ताजें लक्ष ओडूंक पावना.

नुस्तेकान्न आखड्यांत येता
व्हड व्हडान उल्लो मारता
म्होण तें आतां दावन पावना
बसिल्ले कडेंच्यान तें हालता दिसना.

मिन्नुबाय ताका यो म्हण्टा
इल्ले वेळा खेळया म्हण्टा
तें पुण जापूच दिना
ताका वेळ ना न्हीं!

आर्दी मर्दी हागूंक मुतूंक
तें भायर घावंता हें खरें
उरील्लो वेळ –
म्हज्या ओलतराकडेन बसता
आनी, हांव वाचतना
तें आयकूंन घेता
कित्याक जाणां?
तें आतां बुदवंत जालां.

म्हज्यें माजर –
आतां बुदवंत जालां

5.
भांगरा रास

काल राती
सपनांत म्हाका
भूंय खणताखणता
भांगरा रास मेळ्ळी

आदींच म्हाका
आजाप जालो
उपरांत म्हाका
आनंद भोगलो

येवजून रावपाक
वेळ नाशिल्यान
वेगीवेगीन हांवें
केल्ले वांटप

देवाकडेन फुडेंच
प्रसाद मागील्लो देखून
पोसो भर भांगर
देवा सामकार दवरलो

म्हाका बरें मानपी
देवा भटाक म्होण
ल्हानशो एक कुटुको
पळेरांत दवरलो

चेडवाक फाल्या
लग्ना वेळा दिवंक
फावोशें भांगर
पेट्यारांत घालें

भुकेतल्यांक चुकनाशें
जेवण दितले
शेटीक दिलो
व्हडलो कुटुको

ल्हान ल्हान कुटुके
दायज्यांक दिल्ले
ल्हान ल्हान कुटुके
शेज्यार्यांक दिल्ले

अप्रीत कोणाकय
दिसूं न्हय म्होण
मांगतल्यांक मांगतल्यांक
इल्ले इल्ले दिलें

दारांत येतली
चानयेक लोळपाक खातीर
भांगरा पुडी
सोपण्यावेल्यान वितरायली

मुखार म्हाका
वागपाक खातीर म्होण
उरिल्ले भांगर हांवें
गुटलावन दवरले

इतल्यान म्हज्यो
घडयाळ वाजलो
न्हिदेतल्यान हांव
सट्ट उठलो

6.

बांयचो बेब्बो

हांव आसा अशो
म्हाका म्हज्यांतच लिपयता
अशें म्हणींत चाळेयताय
म्हज्येच शेजारचे

हांव हांव अशें सदां उचारूंन
हांव जाला सुवार्थी
अशेंय हें म्हणताय
आनी म्हाका हिणसायताय

हांव बांयच्यो बेब्बो-
अशीं म्हणून हें म्हिजेर कळवळो पावताय
बांयच्या भायर कितें जाता
हांव बावडो पुरतोच नाकळो अशेंय सांगताय

बांयच्या बेब्याचे जीण मरें
बांयतच सोंपतले
अशें कानमंत्र करीत ते हासताय
हांव पुण कार्यीच कानामनार घेना
हेंवय अशेंच आसतना-
हांवें कित्याक तांचेर कान दिवंका?

7.

अशें म्हजें घर

म्हजें घर आसा न्हय ?
केन्ना म्हाका आपयता

जावं हांव वता शारांत
जावं शेजार राज्यांत
जावं भायल्या राज्यांत
तें म्हाका आपयत रावता

केन्ना हांव भायर सरता
घर म्हजें गाल फुगोवन रावता
वता ते बरें, आनी
परतून वेगीन यो म्हण्टा

केन्ना अंतराळयानांत वचपाक सोदता
तेन्ना मारुतीक मनां घे म्हण्टा
जलयानांत बी वता जाल्यार
वरुणाक नाल दी म्हण्टा

होटेलांत रावता तेन्ना
एसीबीसी लावूं नाका म्हण्टा
आंगार शीय घेवन मागीर
दुयेस्त हाडूं न्हय म्हण्टा

खाण जेवण घेता तेन्ना
शिवराकच मागून घे म्हण्टा
मांस बींस खावन आनी
बाटून वचें न्हय म्हण्टा

मायेस्त अशें घर म्हजें
मनांत केन्ना हुसको वावुरपी
परतून हांव येता तेन्ना
मन मेकळून येवकार दिवपी

8.

जलियनवालाबाग

प्रिय जलियनवालाबाग-
आनी तूं सुसेग न्हीद
इतिहासाच्या पानावेल्यान
तूं सुसेग न्हीदून घे-
कोणेय तुका इबाडूंक येना
तुज्ये खातीर कोणेय हुसको घेना
सुसेग न्हीद गे तूं
प्रिय जलियनवालाबाग-

शदाब्दीचे वेळार गे आज
सगळ्येय तुज्यी याद घेतात
कोटयांनी देशभक्त आमी
तुज्ये खातीर अभिमान राखतात
प्रिय जलियनवालाबाग-
इतिहासाच्या पानावेल्यान तूं सुसेग न्हीद.

नरभक्षक रे तूं मैकळडयर-
इतिहास तुका दीना माफ केन्ना
तूंवें केल्ली निश्टूर हत्येचे खातीर
तूंवें तेन्ना माफ मागलेच ना
माफ तूंवें मागपाक जाय आशिल्ले
पुण अशी केन्ना जालेंच ना-
ऊधमसिंगाचे रे गुळ्यो
तुज्यें हडदें चीरनु गेले मेरेंनय
माफ तूंवें मागील्लेंच ना मूं?
म्होण सगट तुज्येर दोशी मानतात
तूं तितलो घातकी आसून
कोणे तुका माफ दिवूं शकना.

तूं अहंकारी आनी
वसणूकवादाचे खरो प्रतिनिथी
कपाकपीक खातीर-
नांव झोडिल्लो मनीशमारो
तुज्यी उर्मटपणाक लागून मरे
आमच्या हड्यांत मुक्ती क्रांतीचो जळ्ळो आग!

ऊधमसिंग, नांव गा तुज्यें
उल्ला केन्ना अजरंवर
तूंच आसा खरो देश प्रेमी
म्हणु दी आमी तुस्त तुजी
इतिहासाच्या पानांवेल्यान–
जांव तूं अजरंवर.

तो दीस आनी येवचिना
मैकळडयर परतून पावचिना
तुज्या पवित्र मातेचेर गे
देशभक्तांले रगत केन्ना व्हांवचिना.

आज हांगा जलमल्याय
ऊधमसिंग सहस्रांनी!
आनी तुका हुसको नाका
आनी तूंवें भिवूं नाका
तूं सुसेग न्हीद –
प्रिय जलियनवालाबाग
इतिहासाच्या पानांवेल्यान
जांव तूं अजरंवर.

9.

चैत्रकविता

चैत्र कविता म्हज्यी–
चैत्र म्हयनाचो हारसो जसो आसा म्हण्टाय
हांतु चैत्राचे बरोबर
वैशाखाचो आगमनूय दिसता
वसंत रुतु
फूलां फळांनी परमळेता

चैत्र कवितेंत–
चैत्र नक्षत्र जगजगता
आनी तितल्यान
पुन्नमेचें चान्ने शिंवरता
वसंत रुतुची सैमीक चमतकार दिसता–
लोकगायनाची होरावणी वयर सरता

चैत्र कवितेंत–
अनंताची भोंवडी आसा
सण परबेंची
स्फूर्ती मेळता
यज्ञ उपासनेंची
मत्रणां आयकूंक शकता

चैत्र कवितेंत-
काळीदासाची सैमीक वर्णन इल्लीशीं प्रगटायता
रवीन्द्रकाव्याचे संगीत
आनी म्होंवसाण इल्लें भोगता
रामायण म्हाभारतांचीं
चित्रणां मेळताय -
खूब कितें अशें
एक वेळा सांगून गेल्याय

तरीय,
कित्याक कळना
थोगड्यां वेळार
कानमंत्रूय जाता:
चैत्र कवितेंत -
पुण,
कविता दिसना अशें
व्हय, चैत्र कवितेंत कविता दिसना म्हण्टाय!

10.

मळब रडलें

मळब
रडलें
व्हड व्हडान-
हुमट्यो काडीत

आतां
मळबाच्या
दोळ्यांचे कोनसाकडेन
उरिल्या
थेंब उदकांत
दिसता
व्याकुळताय-
केन्नाच खातीर म्होण
आपल्याक सोडून घेल्लेलीं
मायेस्त कुपां खातीरची

11.
कविता म्हळ्यार

कविता म्हळ्यार–
हळुहळु व्हांवपी
थंड उदकाचो
वझरो जसो

तडीर रावतना
उमळशीक लायता
बुडून न्हातना
उर्जा दिता

12.

नकसो

मोगाळ म्हज्या भावांनो-
तुमी अशी झगडूं नाकात
एकमेकांचेर आनी
आरोप शिंवरूं नाकात
कागतावेल्यान कोरांतिल्या नकस्याक लागून
देह तुमी पिंजूं नाकात

पवित्र आमची भूंय ही
नीळ्या सायेचे नकस्यानी भाग करूं जाता?
पित्रांनी संबाळून घेतिली माती
चीरूं न्हय रे शाण्या तुमी!
तुमी झगडूं नाकात
देह अशीं पिंजूं नाकात.

परतून तुमका अर्शींच जाय म्होण जाल्यार
पाड पडूं रे तुमचें !
राम रावण झुजाचे भशेन
आनी पांण्डव कौरव झुजाचे भशेन
लडूंन घेयात तुमी
मरूंन घेयात तुमी
पारंपरीक म्होण -
मारामारीचो आक्रोश आयकूं दीयात सदां
पूत नातुरां पणटूरां -
कोण उरूंनाकात हांगा
पितरांक पिंडो वाडूंक
कोण जितोच आसूं न्हय
उदका थेंब्याक खातीर रे
वळवळेवन पडूं पितूर आमचें!
सहस्रांनी वर्सां पर्यांत
वळवळेवन पडूं!

13.

काणी एक व्हडलेघराची

विस्काळ जाग्यार तेन्ना
व्हडलेघर बसताले
साबार कूडींनी सजयल्लेले
आनी आज्जाले शेका खाला चलताले

घराच्या वारांदांत
सदां वेळा
दिसतालो आज्जो
ओलतराचेर बसून सुसेगाद

शिस्त आशिल्लीं
घरांत परिवार
सूय पडल्यार लेगीत -
आवाज गाजतालो

आज्जो गेलो-
जाणट्याचो शेक सोपलो
सुन्नांचे खातीर म्हण्टाय-
व्हडलेघर कातरून घेतले

उजव्यांतलो वांटो
व्हडले भावाले घर जाले
आनी दाव्यांनी
धाकले भावाले घर

घराचे बरोबर
जमिनूय चिरली
दोगाय भावांक मेळ्ळीं
आपआपलीं आंगणां

धाकल्याच्या आंगणांत
रावता आंबो
व्हडल्याच्या आंगणांत
शिंवरतां आंबें!

व्हडल्याच्या मागीलदारा
उबे आसा चींच
धाकल्याच्या शीमेंत
बागेयता खंदे

तुळस जाली आतां
एका परस दोन
दोगांच्या घरांक
भेस बरें सोबताय

बांयचे मदींच
आयली वणटी
बांय आतां जाली
अर्दवर्तुळी बांयो

दायजांक शेजार्यांक
वेळ शेणूंक लागलें
दोनय घरांत
पांय दवरपाचे पडलें

कुलदेव रावतालो
व्हडल्याच्या देवार्यांत
कुलदेवाच्या भेटेक
धाकल्यांचे वचप जाले

नाग उल्लो
धाकल्याच्या पोरसांत
म्होण व्हडल्यांक
थंय वचपाक पडलें

सोरो सिगार
दितलो म्होण
खापर्याची सांबाळणी
धाकल्याचेर सोपयली

व्हडलेघर आतां
गेल्लेच गेले-
लांव घेतलो
पुण देवानच

देवाक फुडें पावतालो
एकूच नार्लवीडो-
आतां पावतात
एका परस दोन!

देवा भटाकय
येणावळींत वाड जाला-
दोगय भावांकडेंन
इश्टागत आसा देखून!

14.
इतिहासांत भौशीक जीण दिसना

इतिहास वाचतली संवय
हालीसराक ताणे सोडल्या-
इतिहास वाचून
ताका वाज आयला
भौशीक जीणोचे विशीं
हांतु कांयच दिसना, तो म्हण्टा

हांतु आसा फकत रायांली काणी
शिंवासनांची काणी
हेर राज्यांचेर धुरी घालेल्यांची काणी
जागो विस्तारूंन घेतल्यांची काणी
मारफारांची काणी
यादस्तीकां उबारलेंल्यांची काणी
कुटुंबीक कथा-
बप्पाली आज्जाली पणजाली
हें परतून परतून वाचून
ताका वाज आयला
भौसांचे दैनीक जीणेचें विशीं
हांतु पुण कांयच सांगूक ना!

देखून, इतिहास वाचपाची सवय
आतां ताणे बंद केल्या
साधारण भौसांची जीण
हांतु दिसना असो ताज्यो आरोप!

15.

धनगर चेड्याले पिरलूक

धनगर चेडो पिरलूक वाचतना
रातभर थंय संगीताचो शिंवर जाता
न्हीद केन्ना लागता
कोणाक कळना
सकाळी उठायतना पुण,
नवो उमेद मेळतालो
वादन सोपयता केदणा
कोण जाणा नाशिले
तो न्हीदता पर्शी वेगीन
सगटांक न्हीद पावताली

सकाळी तो पिरलुक वाजता
गोरवांक खातीर जाता
गोरवा तेन्ना भायर सरताली
आनी फाटल्यान ताज्या चलताली

हरयाळी सोदीत
गोरवां दूर दूर पावतना
वडारुखा मूळांत -
ताजे बसप जाता सुसेगात
तेन्ना ताजे पिरलूक
उमेद भरी गायतले
व्हाळा कडेन न्हावन धूवन-
उदकाचो कळसो मथ्यार घेवंन
घरां वाटेन चलतांली चडवां
घुवन चोयताली-
परतून परतून,
पयस पावं मेरेन

दनपारा खावंक ताका
कालची पेज आसता
आनी वाडाच्या सावटांत सदां
दोळे चिम्मप जाता

वेळ अस्ततेक सरता तेन्ना
पिरलूक ताजी वाजताली
तेन्ना परतून घराचि वाट लावपाक
गोरवां मयांत पावताली

रातीचे, आवय ताका
हूनहुनीत पेज वाडता
आंगणांत फातराचेरआखेर
ताज्ये विश्राम बसप जाता
आनी मेकळेंपणान -
उस्वास सोडप जाता

आतां पिरलूक ताज्यी
अपरूप सूरान गायता-
वाड्यावेल्या ताज्या
भौसांक खातीर
दीसभरच्या कामावेल्यान-
नाका पुरो जावन पडिल्यांचे खातीर
पिरलूक गायता-
मध्यरात मेरेन

केन्ना हो सूर थांबता
कोणाक खबर ना
वाजतल्याचे पशीं वेगीन
आयकतल्यांक न्हीद लागता
आनी, रंगील्या सपनांत तांकां
पुराय बुडेयता

धनगर चेडो पिरलूक वाचतना
रातभर संगीताचो शिंवर जाता
न्हीद केन्ना लागता
कोणाक कळना
सकाळी उठायतना पुण,
नवो उमेद मेळता

16.

हांव दर्येची खोलाय मेजता

हांव,
दर्येची खोलाय मेजतालो
तेन्ना,
ते म्हिजेर हांसताले-
दर्येंत बुडून न्हांवपाक सोदता व्हय?
अशें विचारीत

हांवें पुण,
तांचेकडेन लक्ष दिवकच ना
आनी,
मेजपांतच खोल उल्लो

म्हाका-
दर्येची रुंदाय हुंपपाक जाय आशिल्ली
रावणाक हारोवपाक जाय आशिल्ले
त्या आंजनेयाल्या भशेनूच!

17.

राय नागडो

रायाले आगमन
केळीत जाले तेन्ना
जमील्ले सगट
जय जय म्हण्टाले

पुण, दरवटांत रायाक
दिसले तेन्ना
अचकीत थंय
मूकताय भरली

दादले नाकावेल्यान
बोटां दवरन रावले
बायलो जाल्यार
घूवन रावल्यो

हिटींत सावन
भुरगो एकलो
व्हड व्हडान उल्लो मारता:
राय नागडो! राय नागडो!

रायाले सेवक पुण
मुखार सरूं नात
भुरग्याक बळान
ओडूं नात

जांगेच्या मर्दी
हातापात्त्यो सिरकावन
शिंवासनाचे माक्षी
लिपलो राय
2
दर दिसा
रायाक जाय
आंगवाले न्हेसपाचे
नवें नवें तरांचे

रायालो शिवपी
हुसार आशिल्लो
तरा तरांचे आंगवाले
शिवून न्हेसेयतालो

जें तरांची शिवण
कळताली ताका
पुराय तरांनी शिवून
न्हेसेयला आजून

तरीय रायाली
तान सोंपूक ना
नवें नवें आंगवाले
परतून परतून मागपाची
3
दोळ्यांनी ना दिसपी
विचित्र आंगवाले
न्हेसयला म्होण
त्या दीसा नाडलें शिवप्यान

राय मुखार
पावलो तेन्ना
दादले नाकावेल्यान
बोटां दवरन रावले
बायलो तर
घूवन रावल्यो
भुरगो तो उल्लो मारताः
राय नागडो! राय नागडो!

18.

पूर्वाषाढा

विस्तृत मळबावेल्यान
परजळटा
म्हजें
पूर्वाषाढ-
जगताकडेचे
म्हजें नातें परगटायत

दर म्हयनाच्या
पूर्वाषाढाक हांव
चुकनाशें पावता
अर्चन अनंताक.

आतां,
जाला कितें?
आदींचे पशीं सबार तेजान
परजळटा
म्हजे
पूर्वाषाढ!
पुण,
इल्ले तरी उजवाड
म्हिजेर ना घालता!

19.

आषाढाचो पयलो पावस

तापून पडिल्ले भूंयेक
थंड करीत
आषाढाचो पयले पावस
मंद मंद पडतालो

पयले पावसाकडेन
जोगलां नाशिल्ली
घुडघुडो नाशिल्लो
झोड आनी वारें नाशिल्ले
देखून, पयले पावस
शूर नाशिलो
आषाढाचो पयले पावस
मंद मंद पडतालो

पयले पावस
शांत आशिल्लो
तो घरां मोडूं नाशिल्लो
झाडां हुंमटावंक नाशिल्लो
धोंगुलें कोसळावक नाशिल्लो
तळे बाय्यो भरून व्हावयतां नाशिल्लो
आषाढाचो पयले पावस
मंद मंद पडतालो

पयले पावसाक
उमेदूच नाशिल्लो
आषाढाचो पयले पावस
मंद मंद पडतालो

20.

तो केन्ना दळिद्रो

जल्मातच –
तो दळिद्रो

येतना –
तोंडांत रुप्या दावूल
नाशिल्ले मणला

आजुनय
तो दळिद्रूच–
रीण ताजें
फारीक
जायना म्होण

21.

आल्बम

आल्बम उकतायतना
पयले पानावेल्यान मेळता
धवसाण इल्ली पसरल्लेले चित्र-
बायल आनी घोवाचे
हासमुखीं न्हय तरी
प्रौढी दाखोवपी बिम्बां
हीं आसाय म्हजी-
आवय आनी बापूय

दुसरें पानाचेर दिसता
पाळण्यांत पडला बाळ
पाळण्याकडेंन रावल्याय
म्हज्यो भाव आनी मावश्यो
हें चित्र आसा -
म्हजे नामकरणाचे वेळावेले
अशें आवयन
म्हका सांगून दिला

तीसऱ्या पानाचेर
भुरगो हांव-
बोटानी तादळांत बरयता
मुखार दिवली जळता

सांगात बसला गुरुजी
आनी मर्यांत हेरां
हें चित्र दाखयता
म्हजें विध्या सुरुवतीचें

चौत्या चित्रांत बालक हांव-
हळदूवें न्हेसला
हातांत सातें आनी वडा दंण्ड
हाडाव्यांचेर रावला
म्हज्या उपनयनाचें वेळावेले-
चित्र आसून
परतून परतून पळेतना
मजा दिता!

पांचव्या चित्रांत
होम मांडिल्लो दिसता
अग्नीचे भोवांटेक आसाय
दादलो आनी बायल
मुखार बसला पुरोहित
मर्यांत लोक जमल्यांत
कुटुंबीक जीवनाचे म्हजें
सुभ मंगळ खीण

सव्या पानचेर दिसता
म्हजा हुंटींत बसला पूत
हांव ताका सीत लायतां
मर्यांत बसल्या बायल
सामकार दिसता पुरोहित
आनी कुटुंब परिवार
सोबीत चित्र हें-
पुताक सीतलायताले दिसाचे

उरील्या पानांवेल्यान
पळेवंक मेळतात
कितलेंशीं चित्रां-
कितलेंशे घडणुकेंची
तरीय म्हाका
ओड लायता
पुर्वी   पानांवेली
तीं फिकटी चित्रांच!

22.

व्हडेकार

व्हडेकार बावडो
व्हडे ओडीत आसा
सकाळ सावन सांज मेरेन
व्हडे होळत आसा–
आलतडीचे लोकांक
पलतडी सोडता
पलतडीच्या लोकांक
आलतडी हाडता
परतून पलतडेंच्यांक
पलतडींच पावयता
आनी आलतडेंच्यांक
आलतडीच हाडता
व्हडेकार बावडो
व्हडे ओडीत आसा

केन्ना सावन तो ओडता व्हडे
ताकाच ना याद
आवय पापूय कोण
आसो यादूच येना ताका
व्हडेकार दादाकडेंन पावलो कशीं?
हेवय ताका याद ना
व्हडेकार दादान ताका सांबाळो-
हेंच ताका आसा खबर
व्हडेकार दादान ताका
व्हड्यार बरोबर घेतलो
दादा गेल्ले उपरांत-
तो जालो व्हडेकार!

जाणटेपणांत पावतना आज्य
बरोबर कोण ना, हेंच ताका दुखतां
व्हडेकार बावडो
व्हडे ओडीत आसा

दनपराचे मदी वेळा-
तो तांदूळ शिजोवन खाता
आनी यात्री येव मेरेन
व्हड्या कडेक न्हीदून घेता
व्हडेकार बावडो
व्हडे ओडीत आसा

सकाळ सावन सांज मेरान
तो व्हडे ओडीत आसा
आनी व्हडे रोखडेंच
उदकांत होळत आसा
आलतडी सावन पलतडी
पलतडी सावन आलतडी
आलतडी पलतडी
आनी पलतडी आलतडी
परतून परतून
आनी परतून परतून

व्हडेकार बावडो
व्हडे ओडीत आसा
आनी व्हडे केन्ना
होळत आसा!

व्हड्याक जावो
व्हडेकाराक जावो
ना मूं आज्य
कसलोय लक्ष्य !

23.

निशेध चुंबन

आज आमच्या शारांत
अपुरबांत अपुरूब एक घडणूक घडली
सदाचार नेमाचेर विरोध दाखोवंन
चुंबन चळवळी खातीर उजो पेटेयला.

पयर रस्ट्रोरडांत बसून चुंबिल्या जोड्यांक
सदाचार अधिकार्यांनी दंड लायलें
भौशीक चुंबन मारन विरोध दाखोवंक
तरणाट्यांनी आज आव्हान दिला.

हालींसराक चोंयवशीन हांगा
सबार कार्याचेर निशेध चल्ला
भुरग्याक सुणयाघुडांत राबयले कारणाक
साळ बंद करपाक मागणी जाली
मायभास उलैलेल्याक दंड दिल्ले म्होण
प्रचार्याक काडून उडेवंक मागणी जाली
पिवपाचे उदक मेळना म्होण
रितें कळशें व्हावंन निशेध उक्तायला
येरादरी खातीर वेवस्था ना म्हणून
उदकांतल्यान पोवून निशेध परगटायले
रुग्णालयांत वैज आनी वखद ना म्होण
लोळती मारन निशेध दाखयलो
नीती जोडपाक आदिवासी लोकांनी
दीस भर पायार रावन निशेध जाणयलो
जतनाय घेवूंक पुण कोण पावंक ना
लोकांची गर्दीय केन्ना जावंक ना.

2

भौशीक चुंबन मेळावो पळेवपाक
हजारानी प्रेक्षकांची गर्दी भरल्या
पत्रकार लोक कितलेशें पावल्याय
चेनल लोक कितलेशें पावल्याय
सदाचार कशेंय राखपाक म्होण
अधिकारी लोक बी पावल्याय
रस्तो भरून व्हावंता
येरादारी पूराय बंद जाल्या
आतां विरोधी लोकांची बी
विगड विगड पंगड जमल्याय.

तरुण तरुणी एकमेकांत चुंबन घेताना
सक्षिदार जावपाक पुण
भयण हांगा पावंक ना
भाव हांगा पावंक ना
आवय हांगा पावंक ना
बापुय हांगा पावंक ना–
उक्या रास्तार चुंबनांत मेसळप
सदाचाराक विरुद जाता म्हणून
चुंबन लैंगिकतेक जगयता म्हणून
लैंगिकता उजवाडांत जावपाचे न्हय म्हणून
गुपीत करपाक जाय आशिल्ले
गुपीत रावपाक जाय न्हू ?

आतां उक्या रास्तार रावन चुंबन मारन
सदाचार नेमाचेर विरोध उक्तावंक
उमेदीन पाविल्या तरुण तरुणीयांक
अटक मारन ताणी गाडींत काडून उडेयलें

24.

एकलव्याचो विलाप

पूज्यनीय आचार्य द्रोण
तुजी मनातली घातकाय हांव ना कळो
देखून हांवें तुका उतर दिल्ले-
जें तूं मागता रोखडेंच दिता म्होण.
पुण तुवें मागलो म्हजो आंगठो
आनी हांव तें दिवपाक कर्तव्यदक्ष आशिल्लो

तुजा सारक्या गुरुस्थानियानी
अशीं घात करूं न्हय आशिल्ले.
आतां म्हजो हो मायेस्त आंगठो
वाडापानार पडूंन पेडपेडेता
आनी रक्ताळ्यांत बुडताना
अक्रोश मारीत म्हण्टा म्हजकडें :
चुकले मरे पाप्या तुका
म्हाका अशें कापून उडेयला !
ताज्या शिष्या खातिरच जाणां तूं
मागलें ताणे गुरुदक्षिण सुवार्तपणान
आतां म्हजें बगार शकना तुका
धनुष्य काडून अस्त्र चलोवंक.

पयस रावन पळेला हांवें
पांडव आनी कौरव घेताय अस्त्राभ्यास
इत्सेक लागून पावलो तुज्या सामकार
तुजो शिष्य जावंक अस्त्रविध्या आपणावूंक
हांव निषाद रायलो पूत आसूनय
हिणसायलें म्हाका हीणभुजात म्हणून

4

मातयेची तुजी पुतळी दवरून
भावार्तपणान करतालो अभ्यास
अभ्यास सादून धनुर्धर जावंक
पुण आशेवंक ना हांव जिकूंक कोणाक.

सुण्याची भोंकी कानांत पावतकच
भंग जाली एकाग्रताय म्हजी
बोवाळ ताजो बंद करूंक
अस्त्र सात चलयलीं तोंडांत
पांडवांच्या सोदीक जाप दीत हांवें
म्हळ्ळे उमेदीन तूं म्हजो गुरु अशें

माका आजाप आनी खोस दीत
पावलो तूं आमगेर आज
हांवें केन्ना येवजुपाकच नाशिल्ले
आंगठो म्हजो तूं मागतलो अशें.
जें कितें तूं अर्जुनाच्यान सादपाक सोदतालो
तें म्हज्यानय रोखडेंच करूंक शकताले
द्रुपद रायाक बादून हाडून हांव
तुजा पांयामूळांत दवरतलो आशिलो
तुका हें खबर आसूंक जाय
तरीय तुका अर्जुनूच जाय
विध्या तुजेकडेसून हांवें चोरूं ना मूं
तूंवें तिरस्कारले म्होण स्वय शिकतालो न्हय ?
थुंमेकाल मागूं हांव मुदम आचार्या
असो घतोक तूंवें केन्ना करूं न्हय आशिल्ले!

25.

साणो गांवकार

आमच्या शेजारच्या
साणो गांवकाराक
अचकीत आज
आंगार भार आयला

गांवकार पुराय
जमल्याय माटवांत
हुसके भरीत
कान दीत रावल्याय

खंडे हालोवन
कुंकुम वितरावन
थरथरो घालीत
म्हणटा गांवकारः

मामय कोपल्या
कोपान तापल्या
गांवांत हालीच
अनाचार जाता

सोडूंना कोणाक
सोडूंना मामायेन
उजो पेटेवन
गोबोर करतली

साणो गांवकाराली
एकलीच धूव
कोणाकडेनय सांगनाशें
घर सोडून गेल्ली

पारंपरीक कुळाचार
अमान्य करनु
परजाती इश्टाचे बरोबर
लिपून गेल्ली

नव्यान घेतिल्ले
भांगर तितलेंय
देवूंन वतना
वेल्ला चेडवान

गांवच्या चेड्याकडे
लग्नाक दिवपाक
सगली तयारी
केल्लेली गांवकरान

साकरपुडो जालो
म्हूर्तनिश्चय जालो
सोयरेधार्यां खातीर
आपोवणें गेल्ले

भांगर शिंगार
रोखडेंच एकडायिलें
मंगळसुत्राक खातीर
मणी घुंतली

आवयक विसरलें
बपायक विसरलें
परजात्याकडे रोखडेंच
देवन गेलें

साणो गांवकार
घडणूक सांगपी
सगट गांवकारांचेय
चलणूक जाणपी

साणो गांवकार
देवीचें मन कळपी
धुवचें मन पुण
ना कळो.

26.

काळोख उरलो

उपाट काळखेंत
इल्लो उजवाड जावं म्होण
तेल निस्तावन
वाती जळ्ळी

वाती पुण
ल्हवु ल्हवु सोंपली
कळोख मात्र
आजूनय उरलो.

27.

अस्वस्थ

मनाचें स्वस्थताय
सोडूक म्होण
तो सदां
गीत गायतालो

कोण पुण
आयकवंक ना म्होण
परतून तो
अस्वस्थ जालो.

28.
माय भूंय शेणील्याची व्यथा

कोणाक जाय आज
आयकुपाक हांगा
माय भूंय शेणील्ले
पूरवज्यांची कथा

एक मातेंकडल्यान
निर्दय हुमटावन
दुसऱ्या मातेंत
रोयिल्या रोंप्याक
आदलें भशेन पुण
मूळ धरूंक ना
आदींचे वरी पुण
वाड घेवक ना

जावं तो हेंडलो-
जीव राखपाक म्होण
जावं तो पळ्ळो-
विश्वास संबाळपाक म्होण
चूक न्हय तर
आनी कितें?
जल्मभूंयेक त्याज्यिल्याचे
ताज्ये समर्तन!

विश्वासांत आसपी त्या
देवांचे खातीर मूं
प्रत्यक्षांतल्या माय भूंयेक
विसरायेर घाली!

29.

गोंयांत माम्माक दिसलेना

आ:
परतून आयलोना
तो परतून आयलोना
गोंयांत गेल्लो पूत म्हज्यो
परतून आयलोना
पू:
मोगरें फुलेतां
हांगा चाफेफुलेतां
आंब्या पणसा वासान
म्हज्यें मन फुलेतां
आ:
परतून आयलोना
परतून आयलोना
गोंयांत गेल्लो पूत
आजून परतून आयलोना

पूः
पावस शिंवरता
वोत रखरखता
शेतांत हांगा वाऱ्या वांगडा
भाताकणस नाचतां
आः
परतून आयलोना
परतून आयलोना
माम्माक सोदून गेल्लो पूत म्हज्यो
आजून परतून आयलोना
पूः
बरें मनशांक भेटलें
गोड उतरां आयकली
सगळेकडेन भोवन हांगा
माम्माक म्हाका दिसलेना
अगे माम्माक म्हाका दिसलेना

30.

तिडकेन फुल्लेले फूल

हेमन्त लागतना
अनवसर फुल्लेल्या फुलाक
पुराय वाड ना
म्होण झाड चुरचुरेता
सैमीक चाल रीत ना समजायत
फूल तिडकेन भायर सरलें
थंडी सोसपाक शकना ताका
ही ताज्यी अत्कंठा

अपरिपक्क आसतना
कोणेय तोडना री तुका
अशें म्हण्टा झाड फुल्लाकडेन
अपुरबायेन गाळी मारीत

विसर गे आतां -
तुज्यी चाली आनी रीती
कोणेय तोडना जाल्यार
हो म्हज्यो नशीबूच !
आयूश भर म्हाका
तुज्येकडेन रावपाक जाता मूं
म्हण्टा फूल -
शियांनी कडकडेतनच!

31.

एक मळब आसा

एक मळब आसा
केन्ना आपल्या विशीं मात्र उलेयता

आपण सगळ्यां पशीं
धीग रूंद आसा म्हण्टा
आपण धर्तेरेक
जीवजल दिता म्हण्टा
सूर्याक आनी चन्द्रमाक
आपणान माळूंन घेतला म्हण्टा
आपणाकडेन
नक्षत्रांची साडी आसा म्हण्टा
आनी दर्या –
आपणाले हारसो आसा म्हण्टा

आपुण सगळ्यां पशीं
वयर रावतां आशेंय म्हण्टा
मागीर –
कितें कितें म्हण्टा

एक मळब आसा–
सदां व्हडपण उलेयता

32.
मौन

मौनांत
हयकार आसा

मौनांत
न्हयकार आसा

मौन
गगनाच्या शिमीतींत
व्यापून आसा

मौन
पवसाळ्यातल्या बोमाड्यांच्या
दाटायेंत आसा

33.

मंत्र चुकयेत

भटाक
एक वेळा
मंत्र
चुकयेत

भक्तांक
पुण
मागणें
चुकना!

34.

कित्याक अशीं म्होण कळना

हांव रोखडेंच
घरांत सावन भायर सरता
लागी दिसा परतून-
थयसावनच भायर सरपाक पडता
कित्याक अशीं म्होण कळना

सकाळचे
न्हाता खाता आनी पीता
लागी दिसा परतून
तेंच न्हाण तेंच खावप तेंच पीवप जाता
कित्याक अशीं म्होण कळना

रस्तावेल्यान चलता
मनशांक मेळता हांसता उलयता
लागी दिसा परतून तोच रस्तो
ह्यांच मनशांकडेन मेळप हांसप उलोवप
कित्याक अशीं म्होण कळना

सकाळ जाता रात जाता
दीस जाता म्हयनो जाता रुतु जाता
परतून तीच सकाळ तीच रात
आनी तोच दीस तोच म्हयनों तोच रुतु
कित्याक अशीं म्होण कळना

35.

होमकुंड

भितरल्या भितर म्हज्या
ज्वालंत आसा एक होमकुंड
दर दिसांनी जें कितें घडता नवें नवें
घेता पूर्णाहूती ह्या होमकुंडांत
आनी पुराय घडणुंको एक एक अशीं
पावतात रोकडेंच होमकुंडांत
हांवें वापरली म्हजीं उतरां लेगीत
लासूंन गोबोर पावतात
ह्या होमकुंडांत
हें आसप लेगीत
अखेर म्होण
सदां भशेन घेतली पूर्णाहूती,
ह्याच होमकुंडांत
सदांचे म्होण

36.

नाच सोंपला मोरा हांगा

आमचो एकलो
सोडून गेला
जागो हांगा
रितो घाला
आमी भावा
एक मेळीन
रिती सुवात
भरची आसा

सावूळ घळीक
सुकती लागल्या
नाच सोंपला
मोरा हांगा
आमी भावा
एक मेळीन
मधूर सुरान
गावचें आसा

सारंगीची
सरी तुंटल्या
गंधर्वांचे
गायन शेणलां
आमी भावा
एक मेळीन
सरळ गीत
गावचें आसा

सैम्य संगीत
निश्चल जाला
सौम्य संगीत
निश्चल जाला
आमी भावा
एक मेळीन
सुगम संगीत
गावचें आसा

आमचो एकलो
सोडून गेला
जागो हांगा
रितो घाला
आमी भावा
एक मेळीन
रिती सुवात
भरची आसा

---

* कवी रमेश वेळूस्कार हांगेले यादीक.

37.

तो बरेयता कित्याक?

कविता बरेयता कित्याक म्होण
ताका खबरूच नाशिली
तरीय तो बरेयतालो
कागतां कागतां भर
आपले मनातली व्यथा
आयकूंक कोण नाशिल्यान-
मर्थीत सावन तो
हीं कागताचेर रकयतालो

कागतानी भरल्यो कूडीं
घरा भायरय दिसली कागतां
गांवकारांक कळ्ळे -
कवितेंनी ताणे घर भरलां अशें
गांवांत कवि जाला म्होण-
गांवकार सगट नाचूक लागले
आतां कागतांची राशीक लागून
व्यथा, परतून ताका फाटीक लागल्या

38.

नाका जिबें नाका

नाका जिबें नाका
आनी तूंवें
उलेवूं नाका

जें कोणेय
सांगताय अनिश्ट
सांगूक दी तांकां

जें कोणेय
करताय अनर्थ
करूंक दी तांकां

पाड पडूं गे तांच्ये
तुका देखून-
लागला कितें ?

नाका जिबें नाका
आनी तूंवें
उलेवूं नाका

39.

कोगुळा गो

कोगुळा गो-
तुज्यो सूर
आपण्यान आपणायलो
आनी
तुज्येच भशेन
गायलें हांवें.

तुज्या वांगडा उडूंग गो
मात्र हांव चुकलो
केन्ना केन्ना भायर सरलों
निकतोच घडघडेलो
आनी-
रोखडेंच जमीनीरूच पडलो.

40.

यादीचे क्रम चुकता

कालीच अशें थारायलें
यादी क्रमांत हाडूंक जाय
देखून याद जाली थंय सावन
दर एकाक आंकडो दिता
आंकड्याक आदारून आनी
यादी क्रमांत घालता

सेमिन्द्रांतल्या पाळा भशेंन
याद एका वयर एक कवळून येता
तडीकडेंन आपडतनाच
फुटून सकल रकयता
परतून होळन वचून
आयलेकडेननच भरसता

आतां पळेत जाल्यार -
यादीचें आंकड्यांत घुसपोस जाता
देखूनच यादिचो,
क्रमूय चुकता!

41.

तोच पावस

तेन्ना
पावस पडतना–
आंगवालें
मेकळून उडोवप जाताले
आंगणांत
उडकी घेवप जाताले
पावसांत
खोशींन न्हाण जाताले
तेन्ना
ती रागार जाताली
पुण,
अपरूप उमेद मेळतालो!

आतां
तोच पावस पडतना-
पावसा टोपी
माथ्यावेल्यान घालप जाता
पावसा चोग्यानी
देह पांगुरप जाता
बंद पांयतणांत
पावलां बंद दवरप जाता
चश्मांनी
दोळें लिपोवप जाता
ना तर
तें रागार जाता

पुण,
उमेद पूराय निसरता!

42.

एक कविता जल्मतना

सकाळी उटावंन
दोळे घश्टेतनाच
तें रोखडेच
मुखार दिसता
दीस भरच्या
कामा विशी
देखून म्हाका
विसर पडता

न्हावन घेवन
आंग पुस्तना
तें म्हज्या
मर्यांतच आसता
माथे सोडूंन
पुसप जाता
देखून केंस
ओल्लेच उरताय

खावंक बसतना
हेंवय बसता
आनी तेन्ना
खावपाचेंच विसरता

कामार आसतना
हेंवय आसता
गिराय्कांचेर देखून
आडनदर जाता

रातीचे वेळार
दोळ्यापती लायतना
हें म्हज्येकडेन
थांबनासतना उलेयता
म्हज्या विचारांचे
मंथन जाता
तेन्ना एक
कविता जाता!

43.

रोयल्लेलें ते लुवंता

आदीं तुमीं
निराशा रोयली
देखून आज
दुखां लुवंताय
आनी
जीणेचे वाटेर
कांटो भल्लां म्हण्टाय!

आदीं हांवें
आशा रोयली
देखून आज
आनंद लुवंतां
आनी
जीणेची वाट
म्हाका फुल्लांनी दिसता!

44.

उत्तरा आजून न्याय मागता

वळखतात मरे ?
हांव उत्तरा-
सुभद्राली सून आनी
अभिमन्यूली विधवा

तुमी रोकडेंच जाणा मूं
आजून म्हाका नीती मेळूंक ना!
आनी कितुलें काळ अशें
तुमचेकडेन हांवें मागचें पडतले?

माडांत सांपडांवन तंत्रानी
तो एकडोच आसतना
स जणांनी मेळन मरे
मारन उडेयले ताका?
हो धर्म न्हय अधर्म म्होण -
आनी कोणाकडेन सांगूं हांवें?

हेरांचे जमीन चोरप
बायलांचेर अन्याय करप
कितली वायट वृत्ती ही तुमची
घातकी माम्माले भाचें न्हूं तुमी?

दोळे धापून अंदेपण नाडपी
तुमी रे कुड्या परंपरेचे
शब्द भायर येवूं न्हय म्होण
तोंडावेल्यान आमच्या पाटो बांदला!

45.
उदया वेळार

उदया वेळार
न्हिदूंक सोदतल्यांनो
तुमी अशीं
करूं न्हयें
न्हिदल्यार पुण
खूब नुकसान जातलो
प्रपंचाची प्रचंडताय
पळोवंक तुमका शकचना

भूतकाळाचेर
नदर मारीत
उर्फाट्यानी
मुखार सरतल्यांनो-
तुमी केन्ना
लक्ष्याकडेन पांवचनात
मुखावेले चमतकार
नदरेंत तुमचे दिसचना

सिर्पुटाचेर
काजोळेक दवरून
आग भगभगोवपाक सोदतल्यांनो
कितले खेपे तुमी बेवकूफ जाले
तितलेय पावट हांवें म्हणून दिलां
भायर सरलेलीं
उतरां म्हजीं
कानाक लागून तुमच्या-
परत आयल्यांत
तुमी सदां
आयकूंक चुकल्यात
तुमच्या कानांत
शिशें भल्लां!

46.

सूर्याली दीसपटी

आयतार-
आज सदांचे भशेन भायर सरलो
रस्तार खर्दीच दिसना
मार्गार अडचाण कांय नाशिल्ली
सुटीच्यो दीस जायत
प्रवास सुसेग जालो
आतां मना समाधान दिसता

सोमार-
आज उजवाड पसरचें फुडें
रस्तार गाड्यो दिसताल्यो
भुरगी शाळेंचे वाटेन आशिल्ली
दादले आनी भायलो कचेरींत वताली
शब्दु वयर मेरेन पावतालो
आनी दूळी वयर मेरेन उबताली

मंगळार-
आज सुरवेक सावन-
प्रवाह थंब मेरेन पावसूच आशिलो
तरातरा वर्णांच्यो सत्र्यो
सगळ्यांनी विसकळावन दिसताल्यो
आज चड काम करचे पडलेना
देखून देह हुंमेवंकच नाशिल्ले

बुधवार-
आज सकाळ सावनच
सगळेकडेन रस्तो विजन पडिल्यो
गाड्यो दिसनायशिल्यो
दुकांनां खोलूंक नाशिल्ली
अचकीत कांयकडेन सावन
लोकांचो व्हडलो जमो आयलो
दुसरेंकडेच्यान आनी एक जमो
दोनय एकमेकांकडेन मेळ्ळे
थय मारफार जातालो
घोदळांत कांयींच दिसनाशिले
इतल्यान एक जमो दाव्यान परतलो
आनी जमो उजव्यानी परतलो
कितलें मेल्ले कितलें उल्ले-
मेजप जमलेना !

ब्रेस्तार-
सबार दिसांचे उपरांत
आज नाका पुरो जालें-
मार्गार थोडेंकडेन कुंपा मेळ्ळी
काळेकीट दाट दाट कुंपा
काळखांत मुखार कांयींच दिसनाशिले
उजवाड घालूंकय साध्य नाशिले
दावंतना कुंपांक आडळून पडलो
आतां आंग सामकें दुखता

सुक्रार-
आज सगळेंकडेनय
एकच तराचे दृश्य-
शाळेंच्या मुखार पळेल्यार
सगट फातीर रावल्याय
दादल्यांची फांती वेगळी
बायलांची फांती वेगळी
वेचणुकेक खातीर -
मत मारपाक रावल्याय जातलें
पांच वर्सांची वेचणुक
रोकडेंच आयल्या जायत !

सेनवार-
अस्ततेंकडेन पावतालो
तेन्ना एक विचीत्र घडणूक-
इल्ले वोत आशिले
तरीय पावस शिंवरतालो!
येवजिनाशिल्ले पडिलो पावस आसून
कोणाकडेंनय सत्र्यो नाशिल्यो
सगट जणां एक सारकेंच
बिजून ताप्पो जाल्ली!

47.

अखेरेचें गायन

हें म्हज्यें गायन
अखेरेचें!
सुस्कार सोडीत
म्हण्टाले शेवणें
आनी वसंताक-
येवकारूंक
कोण आसतलो
कोण जाणा?

दुश्शकून उलोवं न्हय गो पापणी
दुश्शकून उलोवं न्हय
पोरूं तूं अशींच म्हण्टाले
अंदूं तूं पावले काय ना?
कितलेशें पावट आयलो रुतू
कितलेशें पावट हांव फुलून रावलों!
जे मनांत उल्लां आग्रो
लांब लांब गो उरता आयू

48.

काकालीन

येयाय सायबा
हात पळोवंया
बोरो वाचीन
भविष्य सांगन!
रस्ताकडेंन बसून
काकालीन आपयता

काकालीनीकडेन
हात दिलो
उतरांक खातीर
कान दिल्ले
भविष्य आयकूंक
तयार जालो

नीट बसली
आंवडो गिळ्ळो
हाता ताळव्यार
बडी लायली
काकालीन मागीर
वाचाळ जाली

भाग्यवंत मनीस गा
देवाची कृपा
तुमचेर
खूब आसा
आयूररेखा
दीग तुमची
निष्टावंत
गृहस्त आसा
बायलेक तुमी
उत्तम पुरुश
निर्दोश स्वभावान
गुणेस्त मानतात
व्यवस्थिती आयची
समा ना म्होण
सारकें मनशाक
सोदून भोवंता!

सामको मनीस-
रोखडेंच मेळतलो
केन्ना मेळता
कशीं मेळता
खंय मेळता
सांगन हाव
दवराय सायबा
म्हज्यो वांटो!

काकालीनीचे मांडाचेर
रुपया उडेयलो
हाता ताळवो
विस्कळ धरलो
आनी बाकी आयकूंक
तयार जालो

तोंडावेली हूंम
वर्लानी ओपली
काकालीन
भव्यपणान सांगूक लागली

सामको मनीस
सामकी मेळतलो
मार्गार जावयें
ओर्णींत जावयें
सांकवार जावयें
गजनीबांदार जावयें
ना जाल्यार
घरांतच जावयें!

देवाचांतरी
सांगन हांव
सामको मनीस
आजच मेळतलो!
उतरां म्हज्यी
फटी जायनाय-
शास्त्र आमचें
केदण चुकना!
सामको मनीस
सामकी मेळतलो!

रुपया काडून
दोळ्यांक लायलो
कुरटावेल्या बोल्सांत
संत सिरकायलो

फाडचाणाच्या करड्यांत सावन
फाडचाण काडलें
फाडचाणा पानाचो
देंट मोडलो
चुन्नो सारयलो
फडी दवरली
पान कवळून
तोंडांत धुंगळें
धुरापनाचो
कुटुको चाबलो
काकालीनीचे तोंडाचेर आतां
दसन फुल्या!

सामके मनशाक
सोदून भोवंता
सामके मनीस
सामकी मेळना-
मार्गार ना
ओणींत ना
सांकवार ना
गजनीबांदार ना!

आयलेल्या वाटेनच
परतून चमकतां
सोदतां सोदतां
घरांत पावता

भितर कुडांत
दीव्याचे उजवाडांत
आलमारीचे
हारस्यांत
म्हाकाच हांव
सामकी मेळता!

होच आसा
सामको मनीस
काकालीनीक
केदण चुकना!

काकालीन : हात पळोवन भविष्य सांगपी बायल.

49.

उतरघात

दर पावटी
ल्हार
तडीकडेन म्हण्टालें-
आनी हांव वचूंना
सोडूंन तुज्यें सांगात
पळय तूं !

पुण,
ल्हाराक वचपाचें पडटालें
तडीक सोडूंन
केन्नाचें खातीर
आनी
मेळनु वताले
त्या सागरांत -
अनंततायेंत भरशेंवंक

तेन्ना,
ल्हारान तडीकडेन दिल्लेले उतर
मोडतालें
त्याच खिणाक!

50.

तुज्यी नाकावेली फुली

काळजांत म्हज्या
आंकुरलो मोग
मनां सावन
फुलून आयलो

नक्षत्रफुल्लां तीं
वयर उबून गेल्लेलीं
मळब भरून
वितरावन रावलीं

कांय एक
सकल पडल्लेलें
व्हय गो बाय
तूंवें नाकाचेर तोपलें?

51.

मोरा पाखां दिसतना

शिगम्यांत
मोरा खेळपा वतना
म्हाका
मोरा पाखां दिसतात.

तेन्ना,
'मोरपाखां' कविता
यादीत येता
आनी
'मोरपाखां' कवीची
याद येता.

आज
कवि ना
तरीय
कविता उल्या.

देखून
मोरा पाखां दिसतना
'मोरपाखां' कविता
यादींत येता
आनी
कवितें पसून
कवीची याद जाता.

52.

तो उलेयता मात्र व्हय?

तो उलेयताले आयकोवंक
लोक खर्दीनी भरतत
थाळावी लोक मात्र न्हय
पयसूलें गांवकांरय पावतात.

तो बुनम्र मोवळ उलेयता
उतरांत काकूळट आसा
तीं आयकोवप्यांचे दुकां पुसतात
आनी संकस्ट ना करतात

तो वाट चुकयतलो आनी मांत्रीक
ताच्यें उलोवप कोणेय आयकूं नज
अशें सांगून ते सगटांक अडयतात
पुण कोण हांकां आयकनात

तो राविलेंकडेन रावून
कितलेशें वेळ उलेयता
उलोवप दीज दीज जातनाय
लोक हालनाशें बसून आयकतात

केन्ना तो उलोवप थांबयता
उलेय गा तूं आमी आयकताय मूं
अशें लोक एक सुरानी मागतात
तेन्ना तो परतून उलेयता

तो उलेयता मात्र न्हय
विचित्र कितें कितें दाखयता
पांच उडें आनी दोन मसळ्यो घेवन
पांच हजार जाणांची भूक निवाळ्या

जल्मा सावनच कुरडो आशिल्याक
ताणे दृष्टी दीवन सोडला
हातुणार आशिल्या पीडेस्ताक
उठावंन घेतला आनी चलेयला

कोणांच्योय शिटकावण्यो ते आयकनात
ते जाणाय तो वाट चुकोवपी न्हय म्होण.

53.
बांग्ळादेश

शीमेच्या* कांठ्याकडेन
निसंगत रावतना आज्य
पयसुल्यानी दिसता 'बांग्ळा'
गांव आमच्यो वांटून दिल्लोलो

मुखार बंद लोखणाची वंय-
हुपूंन वचूं न्हय म्होण आसा
येवपाक जावो वचपाक जावो
हातांत सोमतेंच जाय पारपत्र

थोडें येताय धंय सावन हंयसर
थोडें वताय हंय सावन थंयसर
उपरांत परतताय आपआपला देशान
तोंडाचेर कोणाचें पुण नासता उजवाड

शेवणीं उडताय आता 'बांग्ळा' वाटेन
उपरांत थंय सावन परतून येताय
शेवण्यांचे येवप-वचप जाता सुसेगत
वंयचेवेल्यान अशें सदां भशेन

---

* भारत-बांग्ळादेश शीम. साहित्य अकादमीचे वतीन 2017 ह्या वर्सा अगरतला हांगा जाल्ले 'अभिव्यक्ती' साहित्यीक कार्यावळीक लागून गेल्ले तेन्ना हांगा पावपाचे संद मेळ्ळो.

54.

श्री राम पटामिषेक

ओम नमो गणेन्द्रा पार्वती नन्दना गा
चौदाय विध्याचे स्वामी तुमी गजानन गा

रामान रावणाक झुजांत मारिलो गा
विभीषणाक लंकेचो रायु करिलो गा
राम सीता लक्षमोणुअयोध्ये लौटिले गा
पुषपकविमानासरी अयोध्येलौटिले गा
सुग्रीवु अंगतु, हनुमतु पै चलिले गा
विभीषणु रामासी अयोध्ये चलिलो गा
कपिपरिवारु सग रामासी चलिलो गा
राजाभिषेकु देखूक अयोध्ये चलिले गा

अयोध्ये नगरिये श्रीरामु लौटिले गा
अयोध्ये नगरिये श्रीरामु लौटिले गा

रामा वचन आयकोन हनुमतु चलिलो गा
नन्दीग्रामांत हनुमतान भरताक भेटिले गा
राम वृतांन्त हनुमतान भरताक बोलिले गा
भरताक हडध्यांतु आनंदु भरिलो गा
शत्रुघ्नाक हडध्यांतु आनंदु भरिलो गा
कौसल्याक हडध्यांतु आनंदु भरिलो गा
कैकेयेक हडध्यांतु आनंदु भरिलो गा
सुमित्राक हडध्यांतु आनंदु भरिलो गा

आयकयाय जनांनो रामु आयलो अयोध्येंत
आयकयाय जनांनो रामु आयलो अयोध्येंत

भरतान राम सीतेक नमस्कारु करिलो गा
शत्रुघ्नान राम सीतेक नमस्कारु करिलो गा
राम सीतेन मातृजनांक नमस्कारु करिले गा
राम सीतेन वसिष्टाक नमस्कारु करिले गा
लक्षमणान मातृजनांक नमस्कारु करिले गा
लक्षमणान वसिष्टाक नमस्कारु करिलो गा
भरतानी अभिषेकाक तयारी पै करिले गा
शत्रुघ्नान अयोध्येचो अलंकारू करविले गा

रामा अभिषेकाची तयारी करिले गा
रामा अभिषेकाची तयारी करिले गा

सुग्रीवा वचनी वानर भायर सरिले गा
चारीय समुद्रासी तीर्ध हाडिले गा
राम सीतेक सुवर्णाचे सिंहासनी बैसिली गा
वसिष्टान रामाक अभिषेकु करिलो गा
रामाक नवरत्न किरीट माळिल्ले गा
देवांनी आकाशासी फुल्लांवृष्टी केल्ली गा
गंधर्व गायकांनी सोबान गायिली गा
अप्सरा स्त्रीयांनी नाचु करिलो गा
वसिष्टान राम सीतेक आशीर्वादु दिलो गा
जनक रायान राम सीतेक आशीर्वादु दिलो गा
कौसल्यान राम सीतेक आशीर्वादु दिलो गा
कैकेयी सुमित्रांनी आशीर्वादु दिलो गा

अयोध्ये नगरिये रामु रायू जालो गा
अयोध्ये नगरिये रामु रायू जालो गा

पौढरीकु अश्वमेधु यागु मांडिलो गा
अयोध्ये नगरियेंत ऐश्वर्य भरिले गा
वेळा वेळा पावसांनी धरणेक थिंबयली गा
फूल फळ धन्यांनी गांवु भरिलो गा
सत्य धर्म नीतीन रायान प्रजेक राखीले गा
सत्य धर्म नीतीन रायान प्रजेक राखीले गा
गांवगांवांनी अयोध्येची कीर्ती वाडिली गा
रामराज्य श्रेयराज्य बोलूंक लागीले गा

रामा अभिषेक कथा ऐसेबोलितो गा
श्रीरामा चरणीनमस्कारू करितो गा

आर.एस.भास्कर हांची वळख

जल्म: 4 जुलै 1947, फोर्ट कोची, कोची-केरळ

- **प्रकाशनां :**
  अक्षरां, नक्षत्रां, अक्षतां, युगपरिवर्तनाचो यात्री, चैत्रकविता (कविता),
  चिनू मिनू चानो (बालकविता)
  पंचायतना, गुरुचरणी, आत्मनिवेदन (भक्तीकविता)
  अक्षरमाला, कोंकणी भाशा परिचय (शिक्षणीक)

- **मलयाळम भाशेंतल्यान अणकार :**
  म्हज्या आज्याक एक हस्ती आशिल्ली (कादबरी),
  ब्रह्मर्षी श्री नारायणगुरु (मोणोग्राफ),
  दैवदशकम (प्रार्थनाकाव्य),
  केळीघडाव (काव्य),
  गौरी (कथा संग्रह)

- **मराठी भाशेंतल्यान मलयाळम भाशेंत अणकार :**
  तुकारामवाणी (संत तुकारामाची वैचीक कविता)

- **हेर भाशेंत अणकार जाल्ल्यो कृतियों :**
  अक्षर (अक्षरां-हिन्दी),
  Traveller of the transforming times (युगपरिवर्तनाचो यात्री-English)

- **पुरस्कारां :**
  केन्द्रीय साहित्य अकादमी अनुवाद पुरस्कार, कोंकणी भाशा प्रचार सभा साहित्य पुरस्कार, ताराबाय विष्णु म्हापशेकार वैश्य भारती पुरस्कार, विल्फी रेंबींबस स्मृती पुरस्कार

- **पदवी :**
  अध्यक्ष, 21वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन



आर. एस. भास्कर

आर. एस. भास्कर हे आमचे पिळगेचे एक म्हत्त्वाचे कवी. कोंकणीच्या मूळ पिठापासून पयस कोच्ची सारकिल्या शारांत रावन ते व्हडा निष्ठेन कवितेची साधना करतात.

कांय इतिहासीक आनी तेच भशेन व्यव्हाराक लागून एक पुराय समाज स्थळांतर करता. कोंकणी समाजाचे बाबतींत हें स्थळांतर मुखेलपणान मंगळूर आनी केरळ ह्या वाठारांत जालें. अशें जरी आसलें तरी हो समाज आपलें लोकसंस्कृतायेचें दायज विसरूंक ना. तातूंतलें एक भुरग्यांखातीर आशिल्लें एक गीत आजूय गोयांत आनी केरळ कर्नाटकांत घोळटुकेंत आसा. गोंयांतलें गीत म्हळ्यार 'कावळ्या काक्या रे/बाळाच्या मामा देखिलो?/ देखिलो सांतेकू / रे ताच्या सत्री खांकेकु' हेंच गीत केरळ वाठारांत थोडें वेगळें रुप घेवन घोळटा. गावांत वचून कावळ्या कडेन ते गोंयांत आशिल्ल्या तांच्या सोयऱ्या धायऱ्यांची खबर घेतात. कावळ्याची भूमिका दुताची आसता आमच्या समाज जीणेंत कावळ्याची प्रतिमा अशी रुजल्या. स्थळाकाळा प्रमाण आज परिस्थिती बदलत आसा.

कोणाक जाय आज
आयकुपाक हांगा
मायभूंय सेणिल्ल्या
पूर्वजांची कथा?

अशें थोडेश्या कळवळ्यान कवी उद्गार काडटा. म्हजे नदरेन भास्कराची ही एक महत्त्वाची कविता.

- माधव बोरकार

संजना पब्लिकेशन्स

मोल : ₹ 150/-